भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# दावीद राजा (भाग २)

बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.

देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

दावीद दक्षिण इज्रायलांतलो जुदाचो राजा आशिल्लो.
पूण उरिल्ल्या इज्रायलान
सावलाचो पूत
इश्बोशेताक राजा
म्हूण घेतलो.
सात वर्सां
यादवी झुज
चालूच
आशिल्लें.
पूण दावीद
बळिश्ट आनी
बळिश्ट जालो.



निमाणें राजा इश्बोशेताक
ताच्याच दोन सैनिकांनी मारलो.



तेदनां इज्रायलाचे सगळे वंश दावीदा कडेन येवन ताका इज्रायलाचो राजा म्हूण अभिषेक केलो. निमाणें दावीद सगळ्या राष्ट्राचो राजा जालो.



दावीद राजान पयलीं जेरुसलेम आपल्या अधिकारा खाला हाडले. ताका दावीदाचे शार अशें म्हणपाक लागले. दुस्मानाआड एक गढ म्हूण ताणें तें परतून बांदलें. जेरुसलेम थावन दावीदाचें सैन्य फिलीस्तीन आनी इज्रायलाच्या हेर दुस्मानांचेर जैत मेळोवंक भायर सरलें.





उपरांत दावीद राजान
देवाची पेटी जेरुसलेमांत
हाडली. देवाच्या कोशांत
देवान मोयजेसाक
दिल्ल्या धा आज्ञांच्यो
आनी हेर कायद्याच्यो
प्रती आशिल्ल्यो. इज्रायल
लोकांक देवाचें पवित्रपण
आनी ताचें आदन्या
पाळपाची गरज ह्या
आर्कांतल्यान
उगडास करून दिली.



दावीदाक आपल्या
राजवटीच्या सुर्वेच्या
वर्सांनी जायतीं झुजां
करचीं पडलीं. तो एक
बुद्धीमान सैनिक आनी
देवाचें मार्गदर्शन
मागपी नम्र मनीस.



दावीदाक रावपाक एक
सोबीत घर मेळ्ळें पूण
देवाची आर्क एका तंबूंत
उरता म्हण दावीदाक
त्रास जालो. दावीदान एक
देवूळ बांदपाचें
थारायलें. देवाचो
संदेष्टो नाथानान
ताका मुखार
वचूंक सांगलें.



त्या राती देवान दावीदाक एक संदेश धाडलो: “म्हज्या सेवक दावीद, सर्वेस्पर तुका घर करतलो. तुजे दीस पुराय जावन तुज्या बापाय कडेन आराम करतना तुज्या भुरग्याक तुज्या फाटल्यान राजा म्हूण उबारतलों. तो बांदतलो. म्हज्या नांवाक घर आनी हांव ताच्या राज्याचें सिंहासन सदांकाळ स्थापन करतलों.”

सावलाच्या कुटमांतल्या खंयच्याय जिवंत उरिल्ल्या मनशांक दावीदाक आदार करुंक जाय आशिल्लो. ताका फकत जोनाथनाचो पूत मेफीबोशेत मेळ्ळो, जो अपंग आशिल्लो. “तो राजाच्या एका पुता सारको म्हज्या मेजार जेवतलो” अशें दावीदान सांगलें. दावीद मेफीबोशेताक दयाळू जालो कारण जोनाथन ताचो बरो इश्ट आशिल्लो.



जो मेरेन दावीद देवाचो विस्वास दवरतालो आनी ताचें आज्ञापालन करतालो तो मेरेन देवान दावीदाक समृध्द जावपाक आदार केलो. पूण एक दीस दावीदाच्या जिविताचेर एक भिरांकूळ सावळी पडली. जेरुसलेमांत रावताना ताणें आपलें सैन्य झुजाक धाडलें. एक रात, ताका न्हीद येनाशिल्ली. देखून ताणें आपल्या छप्पराचेर चलून शाराचेर नदर मारली.



दावीदान एक सोभीत बायल न्हाताना पळयली. तिचें नांव बतशेबा. तिचो घोव उरीया, दावीदाचो एक धाडसी सैनिक आसलो तरी दावीदान बतशेबा वांगडा पाप केलें. उपरांत बथशेबान दावीदाक सांगलें की ती गुरवार आसा, तेन्नां दावीदाक कळ्ळें की ताच्या पातकांतल्यान आनीक समस्या निर्माण जातली.







देवा मुखार कबूल करचे

बदला दावीदान आपलें पाप

धांपपाचो यतन केलो. तें केन्नाच काम जायना! उरियाक येवपी बाळक आपलें अशें दिसतलें अशी आस्त बाळगून ताणें झुजाच्या मैदानांतल्यान उरियाक घरा आपयलो. पूण ताचे वांगडी सैनिक झुजांत आसतना उरिया घरांत रावचो नासलो. उरीया राजाच्या घराच्या दारांत न्हिदलो.

म्हणून दावीदान आनीक वायट काम केलें. ताणें उरीयाक परत एक पत्र घेवन झुजाच्या मैदानांत धाडलो. त्या पत्रांत सेनापतीक सांगिल्लें की उरीया झुजांत मेलो हाची खात्री करची. उरीयाक मारून उडयलो तेन्ना, दावीदान बतशेबाक आपली बायल म्हूण घेतली.



देवान आपलो सेवक नाथानाक धाडलो, दावीदाक आपलें पाप दाखोवंक. नाथानान दावीदाक एक गिरेस्त आनी एक भोव गरीब मनशा विशीं एक काणी सांगली. त्या गिरेस्त



मनशाक शेंकड्यांनी मेंढरां आशिल्लीं. पूण त्या गरीब मनशा कडेन एकूच ल्हान मेंढरो आशिल्लो, ती चलये भशेन ताका मोलादीक आशिल्लीं.

जेन्ना एक प्रवासी त्या गिरेस्त मनशा कडेन आयलो तेन्ना त्या गिरेस्त मनशान जेवन्नाक ताच्या मेंढराक मारलो ना. ताचे बदला ताणें त्या गरीब मनशाच्या मेंद्रियाक मारलो.



त्या गिरेस्त मनशाच्या
स्वार्थाक लागून दावीदाक
राग आयलो. ताणें सांगलें,
“ज्या मनशान अशें केलां तो
मनीस नक्कीच मरतलो.”



“तुमी ते मनीस!” धाडसी नाथनान दावीदाक सांगलें. दावीदान केल्लें तें काणयेंत त्या गिरेस्त मनशान केल्ल्या परस खूब वायट आशिल्लें.



देवान दावीदाक तो कितलो वायट आशिल्लो तें दाखयलें.
आनी दावीदाक आपल्या पातकाची दुख्ख जाली. ताणें देवा
कडेन सांगलें: “तुजे आड हांवें
पातक केलां आनी हें वायट
केलां.” आनी देवान दावीदाचें
पातक माफ केलें. पूण
बथशेबाचें भुरगें खूब दुयेंत
आशिल्लें, आनी जल्माक
येतकच रोखडेंच ताका
मरण आयलें.





देवान दावीदाक ताचे भयानक पातक माफ केले. उपरांत बतशेबाक सोलोमन नांवाचें आनीक एक भुरगें जालें आनी तो दावीदा उपरांत व्हडलो राजा जावपाचो आशिल्लो. पूण राजा दावीदाक आनीक जायतीं भुरगीं जालीं, तातूंतल्या कांय भुरग्यांनी ताका व्हड दुख्ख दिलें.

# दावीद राजा (भाग २)

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

२ सामुयेल १-१२

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि
हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात!   जुांव 3:16